Date :20/06/2026 खबरो 8.40pm

मुखेल खबरो

1. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयजसावन दोन दिसांच्या ओडिशा आनी अस्तंत बंगालाचे भोंवडेर आसात
2. वरिश्ठ नोकरशाह विवेक अग्रवाल हांकां 2026-27 वर्सा खातीर अर्थीक कृती कार्यदळाचे उपाध्यक्ष म्हणून वेंचून काडल्यात
3. आंतरराष्ट्रीय योग दीस 2026 (आयडीवाय 2026) फाल्यां संवसारभर मनयतले.
4. फाल्यां जावपाची आशिल्ली 'री नीट' युजी 2026 परिक्षा सुटसुटीत, निष्पक्ष आनी पारदर्शक पद्दतीन घेवपाखाती पुराय तयारी जाल्ल्याचे राष्ट्रीय चांचणी एजन्सी जाहीर केल्या.
5. भारत आनी अफगाणिस्तान हांचे मदली तिसरो आनी निमाणो एकदिवसाचो क्रिकेट खेळ आयज चेन्नयच्या एम.ए.चिदंबरम मैदानार जातलो

आता पुराय खबरो

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयजसावन दोन दिसांच्या ओडिशा आनी अस्तंत बंगालाचे भोंवडेर आसात. ओडिशांत ते मयूरभंज जिल्ह्यांतल्या पहाड़पूर गांवांत राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांच्या 68व्या वाडदिसा नीमतान तांची भेट घेतले. राष्ट्रपती आनी प्रधानमंत्री पहाड़पूरांतल्या संथाली जहेरा आनी हो जहेरा ह्या पवित्र सैमीक थळांचेर प्रार्थना करतले. तशेंच कौशल्य केंद्र आनी पहाड़पूर शाळेक भेट दितले. उपरांत मयूरभंज जिल्ह्यांतल्या रायरंगपूर हांगा मोहन चरण मांझी सरकाराचीं दोन वर्सां पुराय जाल्ल्या निमतान आयोजित कार्यावळीक ते हाजीर रावपाचे आसात.ह्या वेळार ते 47 हजार कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण आनी बुन्यादि फातर बसयतले . ह्या प्रकल्पांत वीज, उद्देगीक मुळावी बांदावळ, रस्ते जोडणी, पिवपाचें उदक, भलायकी, शिक्षण, पर्यटन आनी शिंपणावळ हांचो आस्पाव जाता.उपरांत प्रधानमंत्री हुगली जिल्ह्यांतल्या तारकेश्वरांत अस्तंत बंगाल दिसाच्या सुवाल्याक हाजीर रावपाचे आसात.

**तशेंच ते प्रधानमंत्री किसान सम्मान निधी (पीएम-किसान) येवजणेचो 23वो हप्तो जारी करतले , जाचे खाला देशभरांतल्या 9.44 कोटी शेतकारांच्या बँक खात्यांत थेट 18हजार ,880 कोटी रुपया हस्तांतरीत जातले. तशेंच अस्तंत बंगालांत प्रधानमंत्री फसल बीमा येवजण (पीएम-एफएएस), डिजिटल कृषी अभियानांतर्गत ॲग्री-स्टॅक आणि प्रधानमंत्री धन धान्य कृषी कृशी येवजण (पीएम-धन कृशी येवजण) अशो मुखेल केंद्रीय कृषी येवजण्यो चालीक लायतले .प्रधानमंत्री फाल्यां कोलकातात जावपी आंतरराष्ट्रीय योग दीसाचे कर्यावलीत वांटो घेतलो. हि कर्यावल सकाळीं 6:30 वरांचेर सुरू जातली. उपरांत ते कोलकाताच्या श्यामा प्रसाद मुखर्जी बंदराचेर आयएनएस दुनागिरी, आयएनएस संधोधक आनी आयएनएस अग्रय अशीं तीन स्वदेशी बनावटीच्या नौदल जहाजांचे जलावतरण करतले**

**केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आयज कोल्हापूर आनी इचलकरणजीच्या भेटेर आसात. महालक्ष्मी देवळ वाठारांतल्या वेगवेगळ्या उदरगतकामांचे ते उक्तावण करतले आनी देवळ वाठारांत अस्तंत महाराष्ट्र मंदिर उदरगत येवजणे खाला चालू आशिल्ल्या उदरगत प्रकल्पांचो नियाळ घेतले . तशेच ते कोल्हापूरच्या पुलीस परेड मैदानाचेर भौशीक बसकेंत उलोवप करतले. उपरांत ते इचलकरणजींतल्या जनता सहकारी बँकेच्या नव्या इमारतीचें उक्तावण करतले आनी सहकारी साकर कारखान्याच्या नामकरण व विस्तारा निमतान आयोजीत कार्यावळींत वांटो घेतलो. केंद्रीय घरमंत्री इचलकरणजींतल्या कल्लाप्पण्णा अवडे टेक्सटाईल पार्क मैदानाचेर शेतकारांच्या मेळाव्याकय मार्गदर्शन करतले.**

**वरिश्ठ नोकरशाह विवेक अग्रवाल हांकां 2026-27 वर्सा खातीर अर्थीक कृती कार्यदळाचे उपाध्यक्ष म्हणून वेंचून काडल्यात. . 17 ते 19 जून मेरेन जाल्ले कार्यदळाचे बसकेंत हो निर्णय घेतला. सध्या संस्कृती मंत्रालयांत सचीव आशिल्ल्या अग्रवाल हांणी अर्थीक कृती कार्यदळांत भारतीय शिश्टमंडळाचें फुडारपण केलां आनी मनी लाँडरिंग आणि दहशतवादाक वित्तपुरवठ्या आड झुजपी जागतीक संस्थेंत तांणी मुखेल भुमिका साकारल्या. अग्रवाल**

हांची निवड हे भारता खातीर व्हड जैतआसा  अशें विदेश मंत्रालयान म्हणलां. आतंकवाद्यांक अर्थीक आदार आनी बेकायदेशीर अर्थीक प्रवाहाक आडावपा खातीर भारताची वचनबद्धताय ही नेमणूक बळकट करता अशें मंत्रालयान सोशल मिडिया पोस्टांत सांगलां. टास्क फोर्सतल्या भारतीय प्रतिनिधी मंडळाचो आदलो मुखेली म्हणून ताचो अणभव हे संस्थेची तांक आनीक घटमूट करतलो अशें मंत्रालयान सांगलें.टास्क फोर्सच्या सर्वसादारण बसकेंत मनी लाँडरिंग आनी आतंकवाद्यांक अर्थीक आदार दिवपाच्या यत्नांचेर नियाळ घेतलो. तशेंच बोस्निया आनी हर्झगोव्हिना आनी इराक हांचेर नियंत्रण वाडोवपाचें आनी आल्जेरिया आनी नामिबिया हांकां टास्क फोर्सच्या ग्रे वळेरेंतल्यान काडून उडोवपाचो निर्णय घेतलो . जाइल्स थॉमसन यांची टास्क फोर्सचे फुडले  अध्यक्ष म्हणून नेमणूक जाली. मेक्सिकोच्या एलिसा द आंडा माद्राझोच्या जाग्यार तो येतलो. भारत 2010 वर्सा सावन ह्या कार्यदळाचो वांगडी आसा.

आंतरराष्ट्रीय योग दीस 2026 (आयडीवाय 2026) फाल्यां संवसारभर मनयतले. अंदूंचो हो बारावो आंतरराष्ट्रीय योग दीस, आनी ताचो विशय Yoga for Healthy Ageing ‘आसा . ह्या उत्सवाचो एक भाग म्हूण संस्कृती मंत्रालय देशभरांतल्या 100 सुवातींनी खाशेले कार्यावळी घडोवन हाडटले, जातूंत भारताचें गिरेस्त सांस्कृतीक दायज आनी योग परंपरा एकठांय येतली. आंतरराष्ट्रीय योग दीस 2026 ची मुखेल राष्ट्रीय कार्यावळ कोलकाताच्या इतिहासीक ‘तांबड्या रस्त्यार’ प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला जातली. आयुश मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण अंदू ‘इंडियन काउन्सिल फॉर कल्चरल रिलेशन्स’ आनी विदेशांतल्या भारतीय दूतावासांच्या समन्वयान संवसारांतल्या सुमार 2500 सुवातींनी योग दिसाच्यो कार्यावळी घडोवन हाडटात. हातूंत 210 परस चड भारतीय दूतावास वांटो घेतात, हाचे वयल्यान योग सामुहीक बऱ्यापणा खातीर संवसारीक चळवळ जाला हें स्पश्ट जाता.

विदेश व्यवहार मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी   भारतान ह्या अस्थिर संवसारांत आपले राश्ट्रीय हित, रणनिती स्वायत्तता आनी बहुध्रुवीयता तिगोवन दवरून वेगवेगळ्या भौगोलिक वाथारातले संबंद घटमूट करपाच्या  गरजेचेर भर दिलो .  नवी दिल्लींत जाल्ल्या "इंडिया-यूएस फोरम २०२६'  वेळार उलयतना तानी भारत आणि अमेरिका मंदी जायत्या माळर भागीदारी आनिक घटमुट जायत आसा आनी दोनूय देश आपआपल्यो समस्या आनी

गुंतागुंत पयस करपाचे मार्ग सोदतात अशेंय तांणी नदरेक हाडलें. भारत जसो फुडें वता तसो ताच्या हितांचो व्याप्ती वाडटलो आनी विविधताय येतली अशेंय तांणी सांगलें.

फाल्यां जावपाची आशिल्ली 'री नीट' युजी 2026 परिक्षा सुटसुटीत, निष्पक्ष आनी पारदर्शक पद्दतीन घेवपाखातीर  पुराय तयारी जाल्ल्याचे राष्ट्रीय चांचणी एजन्सी जाहीर केल्या. भारतांतल्या 551 शारांनी आनी विदेशांतल्या 14 शारांनी 22.79 लाखां वयर उमेदवारांची परिक्षा जातली अशें एनटीएन निवेदनांत म्हणलां. हे खातीर निरिक्षक, समन्वयक, पुलीस दळ आनी प्रशासकीय अधिकाऱ्यां सयत दोन लाखां परस चड कर्मचाऱ्यांक नेमिल्ले आसात अशें एजन्सींतल्यान सांगलां. परिक्षा निष्पक्ष  आनी पारदर्शक आसची हे खातीर बहुस्तरीय सुरक्षा वेवस्था केल्या अशेंय एनटीएन स्पश्ट केलां.

बँको, मालमत्ता पुनर्बांदणी कंपनीं आनी रिणां घेवप्यां मदीं आशिल्ल्या संगनमता विशी सर्वोच्च न्यायालयान खर हुस्को उक्तायला आनी व्हड प्रमाणांत रिणाच्या डिफॉल्टाच्यो केशी कशे तरेन सुटावे जातात हाचेर प्रस्नचिन्न उबें केलां.

करदात्यां कडल्यान एकठांय केल्ले भौशीक पयशे बँकां वरवीं रिणाच्या रुपांत दितात, पूण हे देय वसूल करपा खातीर चड करून प्रभावी यत्न जाय नात अशें न्यायाधीश सूर्यकांत आनी व्ही.मोहन हांच्या खंडपिठान निरिक्षण केलें. लोकांच्या कल्याणा खातीर खर्च करपाक जाय आशिल्ल्या भौशीक पयशांचो गैरवापर जाता हाचेर न्यायालयान हुस्को उक्तायला.

सर्वोच्च न्यायालयान  निश्चित पदपथां वयल्यान चलपाचो अधिकार हो मुळावो हक्क आसा असो निकाल दिलो. थारायिल्ल्या पदपथा वयल्यान चलपाचो नागरिकाचो मुळावो हक्क मुखेल आसा आनी मोटार वाहन येरादारी परस ताका प्राधान्य दितले अशें सर्वोच्च न्यायालयान सांगलां  मोटार अपघाताची भरपाय दिवपाच्या प्रकरणांत सर्वोच्च न्यायालयान हो निकाल दिलो. नियुक्त पदपथां वयल्यान चलपाचो मुळावो हक्क चालीक लावपा खातीर नियामक संस्था स्थापन करपाची सुचोवणी सर्वोच्च न्यायालयान केल्या. अशी नियामक संस्था सरकारी वा उद्देगीक नियंत्रणा बगर स्वतंत्र आनी निपक्षपाती निर्णय घेवन संस्थांची प्रामाणीकता तिगोवन दवरतली अशें न्यायालयान सांगलां.

**हवामान**

**भारतीय  हवामान खात्यान आयज उपहिमालयाच्या अस्तंत बंगाल आनी सिक्किमांत उतांगाराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला  तशेंच अरुणाचल प्रदेश, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम, त्रिपुरा, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, केरळत चड  पावस पडपाची शक्यताय आसा .  मजगतीं, उदेंत उत्तर प्रदेश, बिहार, मध्य महाराष्ट्र आनी कोंकण-गोंयांत आयज उश्णताय ल्हारांची शक्यताय खात्यान उक्तायल्या.**

**खेळ**

**भारत आनी अफगाणिस्तान हांचे मदली तिसरो आनी निमाणो एकदिवसीय क्रिकेट सामना आयज चेन्नयच्या एम.ए.चिदंबरम मैदानार जातलो . दनपारां 1:30 वरांचेर हो खेळ  सुरू जातलो भारतान पयलींच 2-आड 0 अशी आघाडी घेवन ही मालिका जिखल्या.**

**परतून एक फावट काय  मुखेल खबरो**

**प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयजसावन दोन दिसांच्या ओडिशा आनी अस्तंत बंगालाचे भोंवडेर आसात**

**वरिश्ठ नोकरशाह विवेक अग्रवाल हांकां 2026-27 वर्सा खातीर अर्थीक कृती कार्यदळाचे उपाध्यक्ष म्हणून वेंचून काडल्यात**

**आंतरराष्ट्रीय योग दीस 2026 (आयडीवाय 2026) फाल्यां संवसारभर मनयतले.**

**फाल्यां जावपाची आशिल्ली ‘री नीट’ युजी 2026 परिक्षा सुटसुटीत, निष्पक्ष आनी पारदर्शक पद्दतीन घेवपाखाती  पुराय तयारी जाल्ल्याचे राष्ट्रीय चांचणी एजन्सी जाहीर केल्या.**

**भारत आनी अफगाणिस्तान हांचे मदली तिसरो आनी निमाणो एकदिवसाचो  क्रिकेट खेळ आयज चेन्नयच्या एम.ए.चिदंबरम मैदानार जातलो**